प्रधानमंत्री विद्यार्थ्यांवांगडा संवाद सादतले

ता. 12 फेब्रूवारी 2018
23 माघ 1939

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी ता. 16 फेब्रूवारी 2018 दिसा सगळीं राज्यां आनी संघप्रदेशातल्या विद्यार्थ्यांवांगडा संवाद सादतले. शाळां-महाविद्यालयीन अभ्यास आनी परीक्षांवेळार ताण कसो हाताळप आनी तो कसो कमी करप हो संवादाचो विशय आसतलो, अशी म्हायती शिक्षण संचालनालयान दिल्या.

विद्यार्थ्यांनी आपले प्रस्न (हीींिः//ळपर्पेींशिंश.ूर्सीं.ळप/ाि-ळपींशीरलींळेप-ुळींह-ींींविशपीी/) ह्या संकेतस्थळावयल्यान धाडचे. कार्यक्रमात फक्त निवडक प्रस्नांचेर संवाद जातलो. इयत्ता 9 वी सावन ते महाविद्यालयामेरेनचे विद्यार्थी प्रस्न विचारपाक शकतात. तशेंच प्रस्न शंभर उतरांवयर आसचो न्हय आनी इंग्लिश वा हिंदीतल्यान आसचो. चडातचड विद्यार्थ्यांनी ह्या संवाद कार्यक्रमात सहभागी जावपाखातीर शाळां प्रमूखांनी प्रोत्साहन दिवचें, अशें शिक्षण खात्यान मागला.